# <u>कला आनी संस्कृती  खात्याची  माटोळी आनी देखावो सर्त</u>

ता. 24 ऑगस्ट  2021

कला आनी संस्कृती संचालनालयावतीन दर वर्सा चवथीनिमतान आयोजीत करपात येवपी राज्य पांवड्यावयली माटोळी आनी देखावो सर्त जाहीर केल्या. चवथ ही हिंदु धर्मियांचो म्हत्वाचो सण आनी चवथीक गणपतीच्या मुर्तीची पुजा करपावांगडाच पारंपारिक माटोळी बांदपात येता. माटोळेक बांदपात येवपी फळां आनी हेर वस्तुंक धार्मिक म्हत्वावांगडाच वखदीं गुणधर्मय आसा. परंपरा आनी संस्कृतीचे संवर्धन जावचे ह्या उद्देशान खात्यावतीन माटोळी सर्तीचे आयोजन करपात येता.

तशेंच राज्यात भौशीक गणेश उत्सव मंडळांवतीन सांस्कृतीक आनी सामाजीक संकल्पनेचेर देखावे तयार करून कलाकारांच्या कुशळटायेक प्रोत्साहन दिवपात येता.  कलाकारांच्या कुशळटायेक वाव मेळचो आनी तांका प्रोत्साहन दिवपाच्या उद्देशान खात्यावतीन देखावो सर्तीचेय आयोजन करपात येता. खात्यान ह्या वर्सा दोनीय सर्तींचे आयोजन केला.

ह्या वर्सा माटोळी सर्तीखातीर पयले इनाम  रू. १५,०००, दुसरे इनाम रु. १०,०००, तिसरे इनाम  रु. ७,५०० तशेंच रु. ५,००० ची पांच उमेद वाडोवपी इनामां दितले.  जाल्यार देखावो सर्तीखातीर पयले इनाम रू. २५,००० , दुसरे इनाम रु. २०,०००, तिसरे इनाम  रु. १५,००० तशेंच रु. ७,००० ची पांच उमेद वाडोवपी इनामां दितले

ह्या सर्तीचे अर्ज कला आनी संस्कृती संचालनालय, संस्कृती भवन पाटो, पणजी-गोंय, रविंद्र भवन – मडगांव, रविंद्र भवन – कुडचडे, रविंद्र भवन – साखळी, रविंद्र भवन – बायणा- वास्को आनी राजीव गांधी कलामंदीर, फोंडा हांगा ता.२४ ऑगस्ट २०२१ सावन उपलब्ध आसतले. पुराय भरिल्ले अर्ज ता. ०३ सप्टेंबर २०२१  मेरेन कार्यालयीन वेळेत स्वीकारले.  हे अर्ज कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या www.artandculture.goagov.in ह्या संकेत स्थळाचेरय उपलब्ध आसात. अर्जदाराक रु. १० अर्ज शुल्क भरचे पडटले.  गणेशभक्त कुटुंबांनी आनी गणेशोत्सव मंडळांनी ह्या सर्तीत व्हडा संख्येन वाटो घेवचो, अशें कला आनी संस्कृती संचालनालयान मागला.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/721

--

Issued by Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji